Panaji

प्रादेशिक खबरो

२७.११.२०२५ @ ७.२० PM

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां कर्नाटक आनी गोंयाक  भेट दितले.
- आयच्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत खूपशे निर्णय जालयात
- इफ्फित मुखेल्मंत्री  प्रमोद सावंत हांणी  नामनेचे सिनेमाटोग्राफर आनी फिल्म निर्माता के.वैकुंठ यांच्या सन्मानार्थ एक स्मारक टपाल तिकिट जारी केले
- जागतिक पावडयावेल्या तीन दिसाच्या आय सी एन सरत आज सावन केळशीत सुरु जाता

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां कर्नाटक आनी गोंयाक  भेट दितले. मोदी कर्नाटकांतल्या उडुपी शारांतल्या श्रीकृष्ण मठाक भेट दितले आनी लक्ष कंठ गीता परायण कार्यावळींत वांटो घेतले. तशेंच कृष्ण गर्भ/गृहा मुखार आशील्ल्या सुवर्ण तीर्थ मंडपाचें उक्तावण करतले  आनी पवित्र कनकण/किंडी खातीर कनक कवच समर्पित करतले. उपरांत शारदा पंच शत महोत्सवा निमित्त गोंयांत श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठाच्या पाचशे पन्नासाव्या वर्षाच्या समारंभात प्रधानमंत्री वांटो घेतले. मठांत श्री रामाची सत्यातर  फूट उंचायेच्या कांस्य पुतळयाचें अनावरण करतले आनी रामायण थीम पार्क गार्डनाचें उक्तावण करतले. ह्या निमतान प्रधानमंत्री उलयतले आनी तशेंच विशेष टपाल तिकिट आणि स्मारक नाणेय प्रकाशित करतले.

श्री संस्थान गोकर्ण  पर्तगाळ  जिवनोत्तम मठाक  550  वर्सा पुराय जावपाच्या फांटभुयेंर फाल्या पर्तगाळ हांगा  प्रधानमंत्री नरेद्र मोदी हांच्या हस्तुकी प्रभु रामाच्या सत्याततर फुट काश्याच्या धातुच्या पुतळयाचे अनावरण जातले. हो  पुतळो गोंयच्या धर्मिक पर्यटनाक उरबा दिवपी थारतलो असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.  फाल्या अडीच वराचेरं  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  गोंयांत पावतात तशेंच  ह्या कार्यावळी बरोबरुच गोंयांत फाल्य पणजे इप्फीचो समारोप  सुवाळो साडेपाच वराचेर जातलो. ह्या दोनुय कार्यावळीक गोयकारांनी व्हडा आकडयान हाजेरी लावची अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

जन विश्वासाच्या नेमाप्रमाण गोंयातल्या 28 कायद्यात जातुन बंदखणींची ख्यास्त आशील्ली,ते बदलुन आता ह्या नेमांचे उल्लंघन केल्यार अर्थिक दंड दीवपाचो निर्णय गोंय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दील्या. केंद्र सरकारान हो नेम चालीक लायला.हे फांटभुयेर गोंय सरकारान लेगीत राज्यातल्या संबंधित 28 कायद्यात बदल केला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. Byte cm जन

इफ्फी २०२५ त दोन वेगवेगळे सिनेमा उद्देग एकठांय येवन सैमाची शक्त आनी साहित्यीक दिग्गजाच्या दायजाची परब मनोवपी एका उत्साही पत्रकार परिशदे खातीर एकठाय आयले. 'वन्या' ह्या कन्नड चित्रपटांत एका जाण्व्या मनशाच्या आपल्या रानांतल्या घरा कडेन आशिल्ल्या अतूट बंधनाची हृदयस्पर्शी काणी उक्ती करता. तो जबरदस्तीन बेदखल करपाक प्रतिकार करता आनी रानांत रुजील्ल्या जिविताक चिकटून रावता. दिग्दर्शक बडीगार देवेंद्रान ताचें वर्णन शारी अराजकता आनी सैमाच्या शांत सत्यां मदलो फरक म्हणून वर्णन केलां जाल्यार अभिनेत्री मेघना बेलावाडी हांणी चित्रपटाच्या खोल भावनिक गाभ्या/बद्दल आनी बापूय-धुवेच्या संबंदा विशीं सांगले.

गोंयच्या पणजीत जाल्ल्या भारताच्या शाप्न्नाव्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज नामनेचे सिनेमाटोग्राफर आनी फिल्म निर्माता के.वैकुंठ यांच्या सन्मानार्थ एक स्मारक टपाल तिकिट जारी केले. गोंयचो सिनेमा कडेन संबंद येवचे पयलीं लेगीत के. वैकुंठ हानी चित्रपटसृष्टीर एक छाप सोडली अशे हे वेळार उलयताना मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हानी म्हणले.ते एक असो मनीस, जाच्या कॅमेऱ्यान क्लासिक भारतीय चित्रपटाची दृश्य भाषा आकारली अशे तानी म्हळे. वैकुण्ठ हांच्या खाशेल्या शैलींत भव्यता आनी सौम्य, सूक्ष्म मनशाच्यो भावना अशे दोनूय प्रकार टिपल्यात अशें तांणी फुडें सांगलें.

ह्या वेळार वैकुण्ठ हाचो एकोणीशेस्त्यातर वर्साचो DOCUMENTARY - 'गोवा मार्चेस ऑन' प्रदर्शीत जालो. ५ दशकां परस चड काळांतल्या कारकिर्दींत के. वैकुण्ठ हानी पसतीस परस चड वैशिष्ट्यपूर्ण चित्रपटांसयत असंख्य जाहिराती आणि माहितीपटांत काम केले. मेरे अपने , बंधन, मौसम, राज, परिचय ह्या कांय व्हडल्या हिट चित्रपटांत ताचो हात आशिल्लो. वैकुण्ठ हांकां ९ फेब्रुवारी २००३ दिसा मरण आयले

६० दिसात मेळपी जमनिची सनद आता पंचेचाळीस दिसाभितर दिवपाचो निर्णय आयज जाल्लया मंत्रिमंडळ बसकेत घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंय जमिन आनी महसुल कायद्यात बदल केल्या उपरात हो निर्णय सरकार बेगीनुच अधिसुचित करतले अशी म्हायती तांणी बसेक उपरात घेतिल्लया पत्रकार परीशेदवेळार दिल्या.

अनुकंपा तत्वार भरती प्रकीया करतना सेवेत आसतना जर कोणांक मरण आयल्यार तांच्या घरच्या सदस्याक नोकरेत घेवपाचो नेम आसा, अशाच पध्दतीन अनाथ आशिल्लया नागरीकाक अनुकंपा त्तवार नोकरी दिवपाक प्राधान्य दिवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला.

हे शिवाय गोंयच्या खण वेवसायात आशिल्लया ट्रक धनयांक 2 वर्साखातीर रस्तो कर माफ केला अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या. गोवा पशु/चिकीत्सा विद्यालयात लागपी 23 विभागातली एकशे पंच्याय्शी पदां खातीर आयज मंत्रिमंडळान मंजुरी दिल्या. हे शिवाय गोंय वैजकीय म्हाविदयालयाच्या आनी हॉस्पिटलात लागपी कंत्राटी कर्मचारी भरतींक, फीडे चेम्पियनशिपाच्या एक्स पोस्ट फेक्टोक बसकेत मंजुरी दिल्या.

भारताची भौशीक सेवा प्रसारक, प्रसार भारती संलग्न अधिसुचोवणे प्रमाण दूरदर्शन आनी आकाशवाणीच्या rnu फाट्यात पूर्णवेळ कंत्राटी पद्दतीन कॉपी एडिटर पदाखातीर अर्ज मागयल्या. 2 दूरदर्शन आनी 1 आकाशवाणी अशी वट्ट 3 पदां उपलब्ध आसात. ही पदां एका वर्सा खातीर आसतलीं, कामगिरीच्या आदाराचेर वाडोवंक मेळटलीं. एकठांय मानधन दर म्ह्यन्याक पस्तीस हजार रुपया आसा. पिराय अठरा नोव्हेंबर २०२५ मेरेन पसतीस वर्सां परस उणी आसूंक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी तीन डिसेंबर मेरेन avedan.prasarbharati.org वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान चवतीस डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे  तापमान एकोणतीस पूज्य आठ   डिग्री  सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

जागतिक पावडयावेल्या तीन दिसाची  आय सी एन सर्त आज सावन केळशीत सुरु जाता. भारता  सयत हेर देशातले १४०० परस चड सर्तक हातुंत वाटेकार जातात